Aakashvani PANAJI Regional Bulletin 7.25 am 7th December 2025

जिल्हा पंचायत वेंचणूक

20 डिसेंबराक जावपी जिल्हा पंचायत वेचणुके खातीर आयज शनवारा तरेकवार मतदारसंघात मेळोन 25 उमेदवारानी अर्ज सादर केले. राजकी पक्षां कडल्यान उमेदवार जाहीर करपाची मोहीम नेटान सूरू आसा. आरजीन शुक्रारा 14 जाल्यार शनवारा आनीक 2 उमेदवार जाहीर केले. काँग्रेसीन 11 उमेदवार जाहीर केले. भाजपान हाचे पयली 40 उमेदवार जाहीर केल्या. उमेदवार जाहीर जाल्ल्यान सगळ्या पक्षांनी प्रचाराक सुरवात केल्या. उमेदवार जाहीर जाले आसले तरी काँग्रेस, गोवा फॉरवर्ड आनी आरजी कडल्यान युतीची चर्चा सूरू आसा.

SIR

सगळ्या मतदारांनि ज्यांनी अजुन त्यांचे गणना फॉर्म सादर करूंक ना त्यांनी ते बेगीनात बेगीन करचे अशे मागणी मुखेल वेचणूक अधिकारी कार्यालयान केल्या. गणना फॉर्म सादर करपाची निमणी तारीख ११दिसिम्बेर मेरेन वाड्यल्या . मतदार वळेरी पुनरिक्षण नोव्हेबरा सावन गोयात सुरु जाला. SIR फॉर्म कशे भरचे ताचो तपशील दिवपी आसा ही म्हायती

CLUB FIRE NSD

गोंयांत आयज रातीं उसरां आरपोरा हांगाच्या एका क्लबांत उजो लागल्या उपरांत उण्यांत उणे 23 जाणांक मरण आयलें. पुलिसांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण दर्यादेगेवेल्या राज्यांतल्या बागा हांगाच्या बर्च बाय रोमियो लेन नांवाच्या क्लबांत मध्यान रातच्या सुमाराक हो उजो लागलो.मध्यान रातीं सुमार सिलिंडर स्फोटाक लागून हो उजो लागला असो दुबाव आसा.

कितल्योशोच उजो पालोवपी निविदा घडणुकेच्या सुवातेर व्हेल्यो, आनी सोडवणूक कारवाय सुरू आशिल्ली. डीजीपी सयत वरिश्ठ पुलीस अधिकारी आनी उत्तर गोंय जिल्ह्यांतले पुलीस पंगड घडणुकेच्या सुवातेर आसात .

गोंयकारांचे आखाती देशांनी स्थलांतरण

आखाती  देशांनी 7 हजार गोंयाकारांनी स्थलांतर केला आनी 6 देशांनी ते काम करतात. गोंयकारा सयत हेर देशांतल्या स्थलांतर केल्ल्या भारतीयांक आखाती देशांनी सुरक्षा आनी भलायकी दिवपा खातीर भारत सरकारान विविध येवजण्यो राबयल्यात, अशी माहिती केंद्रीय परराश्ट्र वेव्हार राज्य मंत्री किर्ती वर्धन सिंह हांणी दिली.आखाती देशांनी भारतीय सुरक्षा, राखण आनी भलयाकी दिवपा खातीर भारत सरकार उच्च प्राधान्य दिता. सरकारान विविध उपक्रम जशे प्रवासी भारतीय बिमा येवजण आनी प्रस्थान जावचे पयलीची दिशा आनी प्रशिक्षण चालिक लायता, अशे ताणी सांगले.

आदिवासी कल्याण संचालनालयान

अनुसूचीत जमातीतल्या विद्‌याथ्र्यांक स्पर्धात्मक परीक्षां खातीर आर्थिक मजत दिवपी भगवान बिरसा मुंडा लक्ष्य सिद्‌धी योजना लावाथ्र्या मेरेन पावोवपाक उच्च माध्यमिक शाळांच्या मुखेल्यांनी येत्न करचे अशें राज्याच्या आदिवासी कल्याण संचालनालयान मांगलां. भगवान बिरसा मुंडा लक्ष्य सिद्‌धी येवजणेखाला विज्ञान फाट्‌यांतल्या अकरावी आनी बारावी यत्तेखातीर दोन वर्सां नीट आनी जेईई परीक्षे खातीर प्रशिक्षण घेवपाक वट्‌ट ३ लाख रुपयांची अर्थीक मजत मेळटा. ही येवजण चडान चड विद्‌याथ्र्यां मेरेन पावची हे खातीर शाळा मुखेल्यांनी : ह्या येवजणेविशी शाळांनी पोस्टर लावचे , सूचना फलकाचेर म्हायती दिवंची , अर्ज करचे खातीर मजत करची अशेंआदिवासी कल्याण संचालनालयान कळींत केलां

## होमगार्ड

होमगार्ड आनी सिव्हिल डिफेन्साचे 63वे वर्सुकी ‘रेसिंग डे’ कार्यावळ आयज पणजेच्या पुलीस मुख्यालयाच्या मैदानाचेर जाली.  मुखेल सोयरे जावन गोंयचे पुलीस महासंचालक श्री आलोक कुमार आयपीएस हांणी होमगार्ड आनी नागरी संरक्षणाच्या वांगड्यांची समाजांत दिल्ल्या योगदाना खातीर आनी गरजेच्या वेळार पुलीस दळाक दिल्ल्या मजती खातीर तोखणाय केलीजायते फावटीं नागरी संरक्षण आनी होमगार्डांचें योगदान उणें   अशें श्री आलोक कुमार हांणी सांगलें.

## स्पोर्ट्स

सँटियागो हंगा जाल्या FIH ज्युनियर बायला विश्वचषक स्पर्धेत भारताच्या ज्युनियर बायला हॉकी पंगडान त्यांच्या निमण्या पूल सी खेळात आयर्लंडाचेर ४-० असो दणदणीत विजय मेळयलो.

## हवामान

गोय वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण काल पणजेत चडात चड तापमान 34.6 सेल्सिअस जाल्यार उण्यात
उणे  तापमान २४ सेल्सिअस नोंद जाला.